# राज्यपालाकडल्यान रामनमीची परबीं

ता. 25 मार्च 2026

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी रामनमीच्या शुभ प्रसंगार  गोंयच्या लोकांक   उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, रामनमीच्या शुभ प्रसंगार  हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी  उर्बेभरीत परबीं भेटयता. रामनम हो भगवान श्रीरामाच्या जल्मतिथीचो पवित्र उत्सव आसा. भगवान श्रीराम सत्य, सद्‌गूण, दया आनी आदर्श राजाचे मूर्तरूप आसा. मर्यादा पुरूषोत्तम म्हूण भगवान श्रीरामाची पुजा करतात. भगवान श्रीरामाची जीण आमकां सत्य, न्याय, मानवता आनी आमच्या दिसपट्टे जीणेत देवभक्तीची मुल्यां आत्मसात करपाक सतत प्रेरणा दिता.

ह्या शुभ प्रसंगार आमी धर्माच्या तत्वांप्रती आमची कटीबद्दता वाडोवया आनी शांतीकाय, सलोखो आनी आमच्या समाजाच्या भरभराटी खातीर एकवटान काम करूया.

रामनमीचो उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय, बरी भलायकी आनी समृध्दी घेवन येव, आनी आमकां सत्याचो मार्ग दाखोव, अशें राज्यपालान संदेशात म्हणला.

म्हा /सप/    / विगां/ 2026/208

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.